**श्री. मॉविन गुदिन्हो हांचे हस्तुकीं येरादारी खात्याच्या दोन उपक्रमांचो शुभारंभ**

ता. 14 ऑक्टोबर 2021

तरेकवार आर्थिक क्षेत्रांक मल्टी मोडल इन्फ्रास्ट्रक्चर कनेक्टिव्हिटी प्रदान करपाखातीर प्रधानमंत्री श्री नरेंद्र मोदी हांणी बुधवारा शुभारंभ केल्ल्या गती शक्ती राष्ट्रीय मास्टर प्लान उपक्रमाचो एक भाग म्हूण उद्देग, वेपार आनी वाणिज्य संचालनालयान आयोजीत केल्ल्या कार्यक्रमात येरादारी मंत्री श्री. मॉविन गुदिन्हो हांचे हस्तुकीं येरादारी खात्याच्या "एकात्मिक रस्तो अपघात डेटाबेस" आनी "ग्राम पांवड्यावयल्या उद्देजकांची नोंदणी" ह्या दोन उपक्रमांचो शुभारंभ जालो.

कार्यक्रमाचे मुखेल सोयरे म्हूण उलयताना श्री. माविन गुदिन्हो हांणी म्हणले, सरकारी प्रशासनाची डिजिटलायझेशना कडेन वाटचाल चालू आसून येरादारी मंत्री म्हूण म्हाका येरादारी संचालनालयाच्या अशाच दोन उपक्रमांचो शुभारंभ करपाक आनंद जाता. सर्वकश रस्तो अपघात डेटाबेस उपक्रमाक लागून शारांनी जावपी अपघातांविशींची सगळीं म्हायती एकाच जाग्यार मेळटली तशेंच अपघात टाळपाखातीर मदत जातली. तशेंच दुसऱ्या उपक्रमाचो फायदो ग्राम पांवड्यावयल्या उद्देजकांची म्हायती एकटाय करपाक जातलो, अशें तांणी सांगलें.

श्री. माविन गुदिन्हो हांणी फुडें म्हणले, गोंय संवसारभर पर्यटन आनी लोह खनिजाखातीर फामाद आसा, पुण आम्ही आता डिजिटायझेशन सेवा कडेन वळपाक लागल्यात. आमका लॉजिस्टिक हब म्हूण फुडें येवपाक आनी प्रदूशण मुक्त उद्देगांक आकर्शीत करपाक भरपूर वाव आसा, अशें सांगलें.

येरादारी संचालक श्री. राजन सातार्डेकर हांणी येरादारी संचालनालयाच्या नव्या उपक्रमांविशीं म्हायती करून दिली.

ह्या वेळार उपस्थितांमदी उद्देग, वेपार आनी वाणिज्य सचीव श्री. जे अशोक कुमार, पुलीस महानिरीक्षक श्री. राजेश कुमार, येरादारी सचीव डॉ तारिक थॉमस, उद्देग, वेपार आनी वाणिज्य संचालीका श्वेतिका साचन, सीआयआय गोंय लॉजिस्टिक्स पॅनलाचे मेन्टोर श्री. अँथनी गॅस्केल आनी एनआयसीचे शास्त्रज्ञ श्री सतीश रेडकर हांचो आस्पाव आशिल्लो.

म्हा /सप/ प्रना/ विगां/ 2021/858

--
Issued by Department of Information & Publicity

Department of Information & Publicity
3rd Floor, Udyog Bhavan,
Near Azad Maidan, Panaji